| प्रादेशिक खबरो |
| --- |
| 02.06.2025 @ 7.20 pm |

## मुखेल खबरो

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हाणी त्यांच्या “खुशाल कल्याण यात्रेच्या” चौथ्या फेरयेत आज उत्तर गोयातल्या पार्से, कासारपाल, वालपय आणि बेती भेट दिली

सरकारी आनी अनुदानित माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या शारिरीक शिक्षण शिक्षकां खातीर ' योगासना ' प्रशिक्षण कार्यशालेचे आयोजन

बेकायदेशीर रितीन गॅस सिलिंडर भरपी रॅकेट आयज पुलिसांनी हाडले उक्ताडार

देशभरात कोविड-१९ चे तीन हजार नऊशे साठा परस चड सक्रिय दुयेंती

## DIP 260

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हाणी त्यांच्या “खुशाल कल्याण यात्रेच्या” चौथ्या फेरयेत आज उत्तर गोयातल्या पार्से, कासारपाल, वालपय आणि बेती भेट दिली. श्रीमती रीता श्रीधरन पिल्लई राज्यपालां वांगडा आशीली. राज्यपालान पेडण्याच्या श्री भगवती देवळाक भेट दिवन आपली यात्रा सुरू केली. ताका आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी येवकार दिलो. श्री भगवती देवळा वतीन कोषाध्यक्ष आनंद राव देसाय आनी मंगेश देसाय, शामसुंदर नायक देसाय, सुरेंद्र देसाय हांणी राज्यपालाक फुला भेटयली राज्यपाल पिल्लई आनी श्रीमती एस. रीता श्रीधरन पिल्लई हांणी श्री भगवती देवळांत प्रार्थना केली. राज्यपालाचो आमदार प्रवीण अर्लेकर आनी पारसे गांवचे सरपंच अजय कळंगुटकार हांणी शाल, श्रीफाल आनी यादस्तीक दिवन भोवमान केलो. उपरांत राज्यपालान हुतात्मा चौकाक भेट दिवन पारशेच्या हुतात्मा चौकात फुलाहार घालून आदरांजली ओपली. कासरपालांतल्या श्री देवी महामाया कालिका देवळांत पावतकच

राज्यपालाक आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये हाणी एवकार दिलो. उपरांत राज्यपालान वाळपयच्या श्री हनुमान देवळाक भेट दिवन प्रार्थना केली. श्री हनुमान देवस्थान समितीचे अध्यक्ष दिलीप कार्पे, नगरपालिकेचे अध्यक्ष प्रसन्न गावस, तुलसीदास कानेकार हजर आशिल्ले. वाळपयच्या जामिया मशिदींत पावतकच राज्यपालाक अध्यक्ष खुदबुद्दीन शाह आनी हेरांनी येवकार दिलो. राज्यपालाचे वतीन मौलान मशिदींत नमाज पठन केले. उपरांत राज्यपालान थयच्या अवर लेडी ऑफ लॉड्र्स इगर्जेक भेट दिवन प्रार्थना केली.

पॅरिश पाद्री फादर विन्स्टन बार्बोसा हांणी ताका येवकार दिलो. हाजीर हेर सहाय्यक पाद्री फादर रॉबर्ट, फादर आग्नेलो फर्नांडीस, फादर लॉरेन्को आनी हेर उपस्थित आशिल्ले. तशेंच राज्यपालान बेतीच्या गुरूद्वाराक भेट दिली. खुशाल कल्याण यात्रा वेळार राज्यपालान आपूण भेट दिल्ल्या सगळया पुजास्थळांनी प्रार्थना करून गोंय आनी राष्ट्राची शांती, सुख आनी कल्याण हांचे खातीर आशीर्वाद मागलो.राज्यपाला वांगडा राज्यपालाचे सचीव संजीव गाउस देसाय, राज्यपालाचे खाशेले अधिकारी आर मिहिर वर्धन, इतिहासकार संजीव सरदेसाय आनी नियंत्रक ए कल्याण हर्ष आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

सुभाष 75

राज्य सरकाराच्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान सगल्या सरकारी आनी अनुदानित माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या शारिरीक शिक्षण शिक्षकां खातीर ' योगासना ' प्रशिक्षण कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. दक्षिण गोंयांतल्या शाळांखातीर ही कार्यशाळा ५ जूनाक मडगांवच्या बहुउद्देशीय खेळां संकुलांत जातली जाल्यार उत्तर गोंयांतल्या शाळां खातीर हेंच शिबिर ६ जूनाक कांपालाच्या गोंय खेळां संकुलांत जातलें.राज्य खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाचे उपसंचालक डॉ. विवेक पवार हांणी राज्यांतल्या सगळया

शाळांनी हे कार्यशाळे खातीर आपले शारिरीक शिक्षण शिक्षक नेमचें अशें शाळांच्या प्राचार्यांकडेन मागला

सुशांत 135

साश्ट तालुक्यातल्या सुरावले ह्या गावात बेकायदेशीर रितीन गॅस सिलिंडर भरपी रॅकेट आयज पुलिसांनी उक्ताडार  हाडले. ह्या प्रकरणांत कोलवा पुलिसांनी पांच दुबावितांक अटक केल्या. तशेंच 80 घरगुती वापराचे गॅस सिलिंडर जप्त केल्यात.सुरावलेंतल्या भंगार अड्ड्याचेर घरगुती गॅस सिलिंडरांत गॅस भरपाचो प्रकार चालू आशिल्ल्याची म्हायती कोलवा पुलिसांक मेळिल्ली. ते प्रमाण सोमारा सकाळीं सुमार पांच वरांचेर कोलवा पुलिसांनी भंगार अड्ड्याचेर धाड घाली. ह्या वेळार घरगुती गॅस सिलिंडरांतल्यान उरिल्लो गॅस काडून दुसऱ्या सिलिंडरांत भरपाचें काम सुरू जाल्ल्याचें उक्तें जालें. अशे तरेन अर्दे भरिल्ले सिलिंडरूय विकताले. कसलोच परवानो नासतना आनी सुरक्षेचे कसलेच नेम पाळनासतना उक्त्या सुवातेर गॅस सिलिंडर भरताले, जाका लागून भौशीक सुरक्षेक धोको निर्माण जालो. कोलवा पुलिसांनी 80 गॅस सिलिंडर जप्त केल्यात. हाचे भायर गॅस भरपा खातीर वापरिल्लें सामानूय जप्त केलां. कोलवा पुलिसांनी ह्या प्रकरणांत पांच जाणांक अटक केल्या अशी म्हायती कोलवा पुलीस स्थानकाचो ताबो आशिल्ले पुलीस निरीक्षक अरुण गावस देसाय हांणी दिली.

DIP 100

दक्षिण गोंय जिल्हो दंडाधिकाऱ्यान दक्षिण गोंय जिल्ह्याच्या मर्यादे भितर धबधबे, खणी, न्हंयो, तळीं आनी हेर तत्सम सैमीक उदका स्त्रोतांत पेवप, न्हावप वा भितर सरपाचेर बंदी घाल्या. दक्षिण गोंय जिल्ह्यांतल्या वेगवेगळया सैमीक उदका थरांत पावसाच्या दिसांनी बुडपाची घडणूक वारंवार घडटा तें पळोवन हो आदेश जारी केला.आदेशाचें उल्लंघन करप्याक भारतीय दंड संहिता 2023 च्या कलम 223

खाला ख्यास्त दितले. मजगती उत्तर गोंय जिल्हो दंडाधिकाऱ्यान पेडणेच्या कोरगांव पेडणें वचपी रस्त्याचेर बीटी एफ 1/4 क्रमांकाच्या इलेक्ट्रीक पोल बेअरिंगा पासून 6 मीटर अंतराचेर हंप प्रकाराचो गतिरोधक उबारपाचो आदेश दिला. तेच प्रमाण ताळगांव ग्राम पंचायतीचे मर्यादे भितर ताळगांवच्या तांबडी माती हांगा 118/3 सर्वेक्षण क्रमांक रस्त्याचेर सगल्या प्रकारच्या येरादारी खातीर 'नो पार्किंग झोन' जाहीर केला.

सुशांत 60

रायचे नवे उपसरपंच म्हणून मान्युएल रॉड्रिगीस हे आयज बिनविरोध वेंचून आयले. तांचो एकूच उमेदवारी अर्ज दाखल जाल्ल्यान तांची बिनविरोध निवड जाहीर केली. हे आदीं ओझवल्ड गॉडफ्रे डिसोझा हांकां अविशवास थाराव हाडून पदावयल्यान काडून उडयिल्ल्यान रिते जाल्ले पद भरुन काडपाखातीर आयज बसका आपयिल्ली. राय पंचायतींत वट्ट 11 पंचवांगडी आसात, तातूंतले फकत 6 पंचवांगडी बसकेक हाजीर आशिल्ले. विरोधी गटाच्या पांच पंच वांगड्यांनी ह्या बसकेचेर बहिश्कार घालो .

DIP 170

नुस्तेमारी संचालनालय पोरन्या गोंयांतल्या नुस्तेमारी प्रशिक्षण केंद्र एला धौजी हांगा 1 जुलय सावन सुरू जावपी स म्हयन्यांच्या नुस्तेमारी प्रशिक्षण अभ्यासक्रमा खातीर अर्ज मागयल्या. नुस्तेंमारी हस्तकला आनी उपकरणां, नेव्हिगेशन आनी सीमनशिपची मुळावीं तत्वां, आनी दर्यांतल्या डिझेल इंजिनांची देखरेख आनी संचालन, आधुनीक नेट आनी दुरुस्ती, दर्यांतल्या खाणांचें मोल जोडप आनी विपणन, नुस्तें पोसप आनी मत्स्यालय बांदप आनी पेवप हांचे प्रशिक्षण दिवपाचो हे अभ्यासक्रम आसा. उण्यांत उणें 8 वी पास आशिल्ले आनी 18-35 वर्सां पिरायेच्या गटांतले उमेदवार प्रवेशा खातीर पात्र आसात. अनुसुचीत जाती आनी

अनुसुचीत जमातींतल्या उमेदवारांक तशेंच दर्यां अणभव आशिल्ल्या नुस्तेमारी समाजांतल्या तरणाट्यांक प्राधान्य दितले. हो अभ्यासक्रम 20 उमेदवारांक मर्यादीत आसा. ह्या अभ्यासक्रमांत प्रवेश घेतिल्ल्या उमेदवारांक. म्हयन्याक 1000 दिसाक आनी नुस्तेंमारी भोंवडे वेळार 100 रुपया दितले इत्सूक उमेदवारांनी अर्ज करपा खातीर नुस्तेमारी प्रशिक्षण केंद्र, एला धौज पोरने गोंय वा मुखेल कार्यालय, नुस्तेमारी संचालनालय, पणजी वा नुस्तेमारी संचालनालयाच्या लागींच्या उपकार्यालयां कडेन संपर्क सादचो. वा नुस्तेमारी अधीक्षक डॉ. सुनीता पाऊसकर यांत्रिक प्रशिक्षक सिद्धेश केरकर, हांचे कडेन संपर्क सादचो. भरलेले अर्ज नुस्तेमारी प्रशिक्षण केंद्र, एला धौज, पोरन्या गोंय हांगा सादर करपाची निमाणी तारीक 20 जून आसा

कोविड 30

देशभरात कोविड-१९ चे तीन हजार नऊशे साठा परस चड सक्रिय दुयेंती मेळल्यात.भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालयाच्या मतान केरळात सर्वाधिक चौदाशे ३५ दुयेंती सापडल्यात ते उपरांत महाराष्ट्रात ५०६ आणि दिल्लीत ४८३ दुयेंती मेळल्या

कुमारस्वामी 100

देशात इलेक्ट्रिक प्रवासी काराच्या निर्मितीक उर्बा दिवपाक सरकारन मार्गदर्शक तत्वा अधिसूचित केल्यात, अशी माहिती अवजड उद्योग मंत्री एच.डी. हाणी आज नवी दिल्लीत माध्यमांक दिली. व्हड आंतरराष्ट्रीय कार ब्रँडांक आकर्षित करपाक भारत किमान ३५ हजार डॉलर्स किमतीच्या इलेक्ट्रिक कारांचेर १५ टक्के कमी आयात कर दिता अशे मंत्र्यान म्हणले. कंपनी देशात इलेक्ट्रिक वाहना गुंतवणूक आणि निर्मिती करपाक सहमत जाली तरच हो फायदो उपलब्ध जातलो, अशे

ताणी सांगले. कुमारस्वामी हाणी म्हणले की, योजनेच्या तरतुदीं प्रमाण मंजूर अर्जदारांक किमान ४ हजार १५० कोटी रुपयांची गुंतवणूक करची पडटली. मंत्र्यान म्हणले की, आता मेरेन मर्सिडीज-बेंझ, किआ, ह्युंदाई आणि स्कोडा यांनी या योजनेत इत्सा दाखय ल्या. टेस्लाबद्दल मंत्र्यांनी सांगले की, टेस्लान देशात फक्त शोरूम उघडपाची इत्सा परगरायल्या

गणेश (रीपीट)80

उच्च शिक्षण संचालनालयान शिक्षणीक वर्स 2025-26 खातीर म्हाविद्यालयाच्या पयल्या वर्सा खातीर ऑनलायन प्रवेशाची दुसरी आनी निमाणी फेरी जाहीर केल्या. 1 जून ते 8 जून 2025 मेरेन अर्ज करपाक मेळटा. ज्या विद्यार्थ्यांक अजून प्रवेश मेळूंक ना तांणी बी.ए., बी.एसस्सी., बी.कॉम., बीबीए., बीसीए. सयत वेगवेगळया पदवी कार्यावळीं सयत बी.एड., बॅचलर ऑफ परफॉर्मिंग आर्ट्स, बॅचलर ऑफ म्युझिक हे खातीरय गोंयच्या उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या समर्थ संकेतथळा वरवीं अर्ज करचो, अशे कळीत केला. हातूंत सुमार 1300 सुवाती आसात. ऑनलायन अर्ज करपाची प्रक्रिया फुकट आसा, अशे शिक्षण संचालनालयान कळीत केला.

हवामान 85

राज्यात नैऋत्य मान्सून सक्रिय जाला.  फाटल्या 24 वरात राज्यात चडशा सुवातिनि हलको  ते मध्यम पाऊस पडला. वालपय -36.6, धारबंदोरा-29.4, पेडणे 28.8, केपे -25 मडगाव-२४.४, कानाकोना-२२.२ सांगे-२१.४, फोंडा -२०.म्हापसा-18.दाबोली -16.6 मिलीमीटर पावसाची नोंद जाल्या तर चडान चड तापमान 32.4 डीसी आणि उणयात उणे 25 डीसी आणि हवेतली आर्द्रता

77% नोंद जाल्या. नैरुत्य आनी अस्तंत मध्य अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी आनी अस्तंत मध्य अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी वराक ४५ ते ५५ किमी. वेगान वादळी वारे वाहण्याची शक्यता आसा. या काळात नुसते मारपयांनी दऱ्यांत वचचे नय असो सललो बेधशाळेन दिला

स्पोर्ट्स 85

प्रो कबड्डी लीगांत 31 मे आनी 1 जून दिसा मुंबयंत जाल्ल्या दोन दिसांच्या लिलावा वरवीं निवडलेलो पंगड फुडल्या हंगामा खातीर तयार आसा.फाटल्या हंगामांत हरियाणा स्टीलर्साक विजेतेपद जिखपाक आदार दिवपी मोहम्मद रजा शादलोई हो लिलावांत सगळ्यांत व्हडलो खरेदीदार आशिल्लो आनी सीझन 12 खातीर गुजरात जायंटस कडेन गेल्लो.मजगतीं देवांक दलाल ह्यांची सगळ्यांत व्हडली बोली लागली . सगल्या सहभागी पंगडां मदीं बंगाल वॉरियर्स, बेंगळुरू बुल्स, दबंग दिल्ली के.सी., गुजरात जायंटस, हरियाणा स्टीलर्स, जयपुर पिंक पॅन्थर्स, पाटना पायरेट्स, पुनेरी पल्टन, तमिळ थलैवाज, तेलुगू टायटन्स, यू मुंबा, यूपी योद्धा हांचो आस्पाव जाता.

नमस्कार